**राज्यपालाकडल्यान गोंयच्या लोकांक होळयेची परबीं**

ता. 17 मार्च 2022

गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी होळीच्या रंगयाळया प्रसंगार गोंयच्या लोकांक उर्बेभरीत परबीं आनी शुभकामनां भेटयल्यात.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, होळी उत्सव व्हडा उमेदीन आनी उत्साहान मनयतात आनी हो उत्सव नव्या आरंभाविशीं सुचित करता. हो उत्सव जात-पात, समाज वा लिंग भेदभाव करीनासतना देशांत सगळीं कडेन मनोवपात येता. होळी उत्सव सलोखो, समजीकाय, समाजीक अखंडताय आनी राष्ट्रीय एकात्मता वाडिक लायता. प्रत्येक वेळा आमी होळी उत्सव मनयतात आनी विविधतायेत एकजूट आनी आमच्या देशाची धर्मनिरपेक्षता मजबूत करतात.

ह्या वर्सा होळी उत्सव मनयताना आमी सुरक्षीत आना निरोगी रावपाचे मतीत दवरूया. रंगांचो उमेदीचो हो उत्सव गोंयच्या लोकांक चड शांतीकाय, भरभराटी आनी उमेद घेवन येव, अशें राज्यपाल म्हणटा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/186

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji